गोंय सरकार

म्हायती आनी प्रसिध्दी खातें
पणजी-गोंय
पत्रक

## 15 ऑगस्टाक स्वातंत्र्य दीस कार्यक्रम

ता.6 ऑगस्ट 2019
15 श्रावण 1941

देशाच्या हेर भागा प्रमाण गोंय राज्यांत 15 ऑगस्ट 2019 दीसा स्वातंत्र्य दीस मनोवपाक येतलो. राज्य पातळीवयलो मुख्य स्वातंत्र्य दीस सुवाळो पणजेच्या पोरण्या सचिवालयामुखार जातलो. सकाळी 9.15 वरांचेर जावपी स्वातंत्र्य दीस सुवाळ्यात मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत राष्ट्रीय तिरंगो बावटो हुबोवन संचलनाची पळोवणी करतले आनी जनतेक उद्देशून भाशण करतले. ह्या वेळार मुख्यमंत्र्या हस्तूकीं वेगवेगळ्या मळावयल्या योगदानाखातीर पुरस्कार भेटयतले.

स्वातंत्र्य दीस सुवाळ्याक गोंय विधानसभेचे सभापती श्री. राजेश पाटणेकर, मंत्रीमंडळातले वांगडी, विरोधी फुडारी श्री. दिगंबर कामत, खासदांर, आमदांर, उच्च न्यायालयाचे न्यायाधिश, ॲडव्होकेट जनरल, स्वातंत्र्यसैनिक, नगरसेवक आनी हेर मानेस्त उपस्थीत रावतले.

मुख्यमंत्र्यांचे सुवाळयाच्या थळार आगमन जालेबरोबर महसुलमंत्री श्रीमती जेनीफर मोन्सेरात, मुख्यसचिव श्री. परीमल राय आनी पुलीस महासंचालक श्री. प्रणव नंदा तांका येवकार दितले.

स्वातंत्र्य दिस सुवाळ्यानिमतान राजभवन, पोरणे सचिवालय, लेखा संचालनालय, पर्वरीच्या नव्या सचिवालय इमारतीचेर ता. 14 आनी 15 ऑगस्ट दिसा रोषणाय करतले.

खेळा खात्यान पणजे सकाळी शाळांच्या भुरग्यांची प्रभात फेरी आयोजित केल्या. तसेच सायकल आनी मॅराथन सर्तीचे आयोजन केला. स्वातंत्र्य दीस सुवाळ्यात बाल भवनाची भुरगीं देश भक्ती गीतां सादर करतलीं.

जिल्हो पातळीचेर मडगांवा जावपी स्वातंत्र्य दीस सुवाळयात उदकास्त्रोत मंत्री श्री. फिलिप नेरी रॉड्रिग्स राष्ट्रीय तिरंगो बावटो हुबयतल्ये. फोंडेच्या क्रांती मैदानार जावपी स्वातंत्र्य दीस सुवाळयाक कला आनी संस्कृती मंत्री श्री. गोविंद गावडे राष्ट्रीय तिरंगो बावटो हुबयतले.

राज्यात तालूका पावड्यांचेर म्हापसा हांगा जावपी स्वातंत्र्य दिस कार्यक्रमात विज्ञान आनी तंत्रज्ञानमंत्री श्री. मायकल लोबो, दिवचल हांगा जावपी कार्यक्रमात आमदार श्री. प्रवीण झांट्ये, काणकोण हांगा जावपी कार्यक्रमात उपसभापती श्री. इजिदोर फर्नांडिस, वास्को हांगा जावपी कार्यक्रमात येरादारी मंत्री श्री. माविन गुदिन्हो, पेडणे हांगा जावपी कार्यक्रमात उपमुख्यमंत्री श्री. मनोहर आजगांवकर, केपे हांगा जावपी कार्यक्रमात उपमुख्यमंत्री श्री. चंद्रकांत कवळेकर, धारबांदोडा हांगा जावपी कार्यक्रमात भौशीक बांधकाम मंत्री श्री. दिपक पाऊसकर, सांगे हांगा जावपी कार्यक्रमात वीज मंत्री श्री. निलेश काब्राल जाल्यार वाळपय जावपी कार्यक्रमात सत्तरीचे उपजिल्होधिकारी राष्ट्रीय तिरंगो बावटो हुबयतले.

पत्रादेवीच्या हुतात्मा स्मारकाकडेन सकाळी 11.30 वरांचेर जावपी कार्यक्रमात मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत, स्वातंत्र्य सैनिक आनी हेर मानेस्तांच्या वांगडा हुतात्म्यांक आर्गा ओपतले.

15 ऑगस्ट दिसा सांजवेळा 5.15 वरांचेर राज्यपाल राजभवनार येवकार सुवाळ्याचे आयोजन करतले.
मा/वाप/एमएस/जॉआ/विगां/प्रधु/2019/425

--

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA
PHONE-0832-2422675
0832-2226047
0832-2426168
FAX 0832-2224211